# कलांगण केंद्राच्या नाच, संगीत आनी नाटक महोत्सवाचे उक्तावण

ता. 28 एप्रिल 2017
8 वैशाख 1939

मडगांवच्या कलांगण केंद्रान कला आनी संस्कृती संचालनालयाच्या सहकार्यान मडगावच्या रविंद्र भवनात आयोजित केल्ल्या पाच दिसाच्या कलारंग हया नाच, संगीत आनी नाटक महोत्सवाचे नामनेचे कलाकार पद्मश्री प. प्रसाद सावकार हांचे हस्तूकी काल उक्तावण जाले. गोंय मनोरंजन संस्थेचे अध्यक्ष आनी कलांगण केंद्राचे उपाध्यक्ष श्री. राजेंद्र तालक आनी हेर मानेस्त उक्तावण कार्यक्रमाक हजर आशिल्ले.

हया वेळार उलयताना पं. सावकार हांणी कलांगण केंद्राच्या कला क्षेत्रातल्या वावराची तोखणाय करून फुडल्या वावराखातीर परबीं दिली. प्रत्येकान खंयच्याय तरी क्षेत्रात आवड दाखोवन त्या क्षेत्रात यश मेळोवपाचो यत्न करपाक जाय, अशेंय तांणी सांगले.

श्री. तालक हांणी येवकाराच्या उलोवपात कलांगण केंद्राच्या वावराची म्हायती दिली.

महोत्सवाच्या उक्तावण कार्यक्रमाउपरांत पं. शिवकुमार शर्मा हांचे संतूरवादनाचो कार्यक्रम जालो. तशेच पं. संजीव अभ्यंकर हांचो शास्त्रीय संगीत आनी भक्ती संगीताचो कार्यक्रम जालो. ता.29 एप्रिलाक श्रीमती सुजाता मोहपात्रा हांचो ओडिसी नृत्याचो कार्यक्रम जातलो. 30 एप्रिलाक 'वाडा चिरेंबदी' आनी 1 मे 'मग्न तळयाकाठी' नाटकाचो प्रयोग जातलो.